# <u>नैतिक मतदानाचेर मतदार जागृताय कार्यक्रम जालो</u>

ता. 1 मार्च 2024

मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान आयज मडगांवच्या कदंब बस स्थानकार दिव्यांग संघटनेच्या सहकार्यान नैतिक मतदानाचेर मतदार जागृताय कार्यक्रम आयोजीत केल्लो. मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री. रमेश वर्मा हांणी कार्यक्रमात सहभागी जाल्ल्या लोकांक आनी दिव्यांग मतदान अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांक मतदानाचे म्हत्व आनी मतदान प्रकियेविशीं म्हायती करून दिली. तांणी मतदान केंद्रां आनी हेर मतदान प्रक्रियेच्या कामाच्या थळार काम करपी दिव्यांक कर्मचाऱ्यांक प्रोत्साहन दिवन तांकां सगळ्यां तरेचे सहकार्य दिवपाचे उतर दिले. दिव्यांग कर्मचाऱ्यांच्या उत्कृश्ट मतदान केंद्राक पुरस्कार दिवपाची तशेंच राष्ट्रीय मतदार दिसा मतदान केंद्रांचेर काम केल्ल्या दिव्यांग कर्मचाऱ्यांचो सन्मान करपात येतलो, अशेंय तांणी सांगलें.

दिव्यांग व्यक्तिखातीरचे स्टेट आयकॉन श्री. ताहा हाजिक हांणी मतदान केंद्रांचेर दिव्यांगांखातीर सुलभ सुविधा जाल्यार निरंजन जाधव हांणी व्हिलचेर वापरपाच्या नेमांविशीं मार्गदर्शन केले.

मनोविकार समाज कार्यातले सहाय्यक प्रोफेसर आनी सुलभ वेंचणूक नोडल ऑफिसर श्री. सुदेश गावडे हांणी येवकाराच्या भाशणात कार्यक्रमाचो उद्देश सांगलो.

ह्या वेळार दिव्यांग मतदान कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो. श्री. विशांत नागवेकर आनी डॉ. विठ्ठल राणे हांणी दिव्यांग मतदान कर्मचाऱ्यारी मतदान केंद्राचेर काम करतना आयिल्लो अणभव सांगलो. ह्या वेळार ईव्हीएम वापराविशीं प्रात्यक्षीकां दाखयली.

स्विप नोडल ऑफिसर श्रीमती दिपाली नाईक आनी पॅट्रीक डिसौझा आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

जोड मुखेल वेंचणूक अधिकारी श्रीमती त्रिवेणी वेळीप हांणी उपकाराचे उलवप केले, जाल्यार शिवांगी आमोणकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/144

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.